भारत आनी थायलंड हांणी आयटी, दर्यावेल्या,सूक्ष्म ल्हान आनी मध्यम उदेग , हस्तकला आनी हातमाग क्षेत्रां सयत वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी सहकार्याखातीर स कबलाती केल्यात. आयज दनपारां बँकॉकांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी थायलंडाचे प्रधानमंत्री पेतोंगटार्न शिनावात्रा हांचे मदीं द्विपक्षीय उलोवणी उपरांत ह्यो कबलाती जाल्यात. दोनूय वटांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो आनी द्विपक्षीय भागीदारी आनीक घटमुट करपाचेर चर्चा केली. प्रधानमंत्री मोदी 6व्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेवपा खातीर थायलंडाक दोन दिसांच्या भोंवडेर आसात. विमानतळार थायलंडाचे उपप्रधानमंत्री सूर्य जुआनग्रुआंकित हांणी तांका येवकार दिलो. ह्यावेळार थायलंडांतल्या भारतीय समुदायानूय प्रधानमंत्र्याक येवकार दिलो. भारतीय समुदायाकडल्यान मेळिल्ल्या उमेदीच्या येवकाराचे उपकार मानून तांणी सांगलें की भारत आनी थायलंड हांचे मदीं खोलायेन रुजल्लीं सांस्कृतीक संबंध आसात. उपरांत  भरतनाट्यम आनी थाई शास्त्रीय नृत्यशैलीचो मिलाप दाखोवपी कार्यावळ सादर जाली. तशेंच थाई रामायणाचे सादरीकरण रामकीन प्रधानमंत्र्यानि  पळयले . भारत आनी थायलंड हांचे मदल्या संस्कृतीक संबंदांक सोबीतपणान दाखोवपी आनी  खऱ्या अर्थान समृध्द करपी अणभव आसा अशें तांणी सांगलें. श्री मोदीन फुडें सांगलें, आशियांतल्या जायत्या वाठारांनी रामायण काळजां आनी परंपरा जोडटा. प्रधानमंत्री फाल्यां 6 व्या बिम्स्टेक शिखर सभेंत वांटो घेतलो. ह्या शिखर सभेंत जायत्यो कबलाती आनी घोशणा जावपाची शक्यताय आसा. ही परिशद सोंपयतकच मोदी फाल्यां श्रीलंकेक तीन दिसांच्या भेटी खातीर भायर सरतले.

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ.s जयशंकर हाणी बिमस्टेक वांगडी देशांनी सध्याच्या जागतीक वेवस्थेंत आशिल्ली अनिश्चितताय आनी अस्थिरताय पळोवन  संघटनेकडेन चड महत्वाकांक्षी पद्दत आपणावपाचो उलो मारलो. थायलंडांतल्या बँकॉकांत जाल्ले विसावे बिमस्टेक मंत्रिमंडळ बसकेंत ते उलयताले . नवी वेवस्था चड प्रादेशिक

आनी अजेंडा-विशिश्ट आसा अशें ताणी सांगलें. बिमस्टेक वांगडी देशांनी वीज ग्रिड जोडणी, डिजिटल मुळावी बांदावळ, वेवसायीक कार्यावळी, दर्या आनी जमनीवयली येरादारी, निळी अर्थवेवस्था, भलायकी, अन्न आनी उर्जा सुरक्षा अशा गंभीर प्रश्नांच्या एकीकरणांचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय अशे तांणी मुखर सांगाला. फुडारात तंत्रगिन्यान, स्टार्टअप आनी नवनिर्माणाची चड म्हत्वाची भुमिका आसतली हाचेर तांणी भर दिले. हालींच जाल्ल्या व्हड भूंयकांपाक विदेश वेव्हार मंत्र्यानी म्यानमार आनी थायलंडाक तेंको दीला. हे परिस्थितींत भारत पयलो प्रतिसाद दिवपी म्हूण आपलें कर्तव्य पाळटा अशें तांणी उक्तायलें.हे बसकेंत बिमस्टेक विदेश वेव्हार मंत्र्यांनी दर्यावेल्या येरादारी सहकार्याचेर कबलात केल्या.

100

अन्नधान्याचो दर्जो सुनिश्चीत करपा खातीर सरकार बेगीनूच देशांत शंबर अन्न चांचणी प्रयोगशाळा बांदतले अशें केंद्रीय अन्न प्रक्रिया मंत्री चिराग पासवान हांणी सांगलें. लोकसभेंत प्रस्न तासांत पूरक प्रस्नांक जाप दितना अन्नधान्य उत्पादनांच्या दर्ज्या विशीं सरकार तडजोड करचो ना अशें पासवान हांणी सांगलें.

वक्फ मंडळाच्या जमनी संबंदी वक्फ दुरुस्ती विधेयक आयज राज्यसभेंत चर्चे खातीर मांडले. केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी विधेयकाची मांडावळ करतना सांगलें,की हे संबंदी नेमिल्ले संयुक्त संसदीय समितीन एक कोटी परस चड सुचोवण्यो आनी हरकतींचो अभ्यास करून हो मसुदो तयार केला. वक्फ जमनीचो योग्य वापर जाल्लो जाल्यार देशांत बदल जावपाचो अशी आस्त तांणी उक्तायली. काल रातीं उसरां लोकसभेंत वक्फ दुरुस्ती विधेयक 2025 संमत जालें. वक्फ मालमत्तेचें वेवस्थापन सुगम करप, तशेंच दायज थळांची राखण आनी समाज कल्याणाक चालना दिवप हो ह्या विधेयकाचो चो हेत आसा . तशेंच मालमत्तेच्या वेवस्थापनांत पारदर्शकता वाडोवप, वक्फ मंडळ आनी थळाव्या अधिकाऱ्यां मदीं समन्वय वाडोवप, आनी सगळ्या भागधारकांचे हक्क राखप हाचेरय ह्या विधेयकांत

भर दिला. अल्पसंख्यांक समाजा खातीर भारत हो सगळ्यांत सुरक्षीत देश अशें आसा आनी ह्या विधेयकाक मुसलमानांच्या धर्मीक आचरणां कडेन कांयच संबंद ना अशें तांणी स्पश्ट केलें.विरोधकांक जाप दितना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहान सांगलें, मंत्रीमंडळान मान्य केल्ल्या संयुक्त संसदीय समितीन सविस्तर चर्चा करून हें विधेयक मांडलां.

वक्फ मंडळांत बिगर मुसलमान वांगडी आसचे नात अशें तांणी स्पश्ट केलें.

चर्चा सुरू करतना काँग्रेसीचे गौरव गोगोय हांणी ह्या विधेयकांतल्यान सरकारान लोकांक चुकीची वाट दाखयल्या असो आरोप केलो. हें विधेयक अघटित आसा अशें तांणी सांगलें. ह्या कायद्यांत दुरुस्ती केल्यार आनीक समस्या निर्माण जातली अशी टिका तांणी केली.चलनवाड, बेकारी, आनी हेर प्रस्नां कडेन संबंदीत आशिल्लीं अपेसां लिपोवपा खातीर हें विधेयक हाडलां अशी टिका समाजवादी पक्षाचे अखिलेश यादव हांणी केली. तृणमूल काँग्रेसीचे खासदार कल्याण बॅनर्जी हांणी प्रस्तावीत कायदो चुकीचो, अविवेकी आनी मनमानी अशें म्हणलें. डीएमकेचे ए.राजा हांणी हें विधेयक अघटित आसा असो आरोप केला. भाजपाचे रविशंकर प्रसाद हांणी विरोधकांनी सोयीस्कर रितीन संविधानाचो उल्लेख केल्ल्यान टिका केली.

40

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी  आयज नवी दिल्लीच्या साउथ ब्लॉकांत माउंट एव्हरेस्ट आनी माउंट कंचनजुंगा मोहिमेक पंचवो बावटो दाखयलो. गिर्यारोहकावंगडा संवाद सादतना राजनाथ सिंग हाणी  तांच्या धैर्याची, समर्पणाची आनी निर्धाराची तोखणाय केली. हे मोहिमेक लागून तरणाट्यांक उरबा मेळटली असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

भारतिय  हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांत , तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ, माहे, आनी कर्नाटकातल्या काय  वाठारांनी  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

फाल्यांसावन  उत्तर प्रदेशांतल्या झांसीतल्या मेजर ध्यान चंद हॉकी स्टेडियमांत पंदराव्या हॉकी इंडिया वरिष्ठ दादल्यांच्या राष्ट्रीय सर्तीक सुरवात जातली. ही सर्त15 एप्रील मेरेन चलतली .

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तीत कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानार आयज कोलकाता नाइट रायडर्स आनी सनरायझर्स हैदराबाद पंगडाआड खेळटलो. हो खेळ सांजे 7:30 वरांचेर सुरू जातलो.

इतलयेण हयो राष्ट्रीय खबरो सोपल्या .